१७.०२.२०२६ @ ८.४० AM

आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरा

हयो आसत काय मुखेल खबरो

- आंतरराष्ट्रीय फ्लीट रिव्हयू (IFR) २०२६ पळोवपाक राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज सावन दोन दिसांच्या आंध्र प्रदेशाच्या भेटीर वतली.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज मुंबयंत फ्रांसाचे राष्ट्रध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांची भेट घेतले
- केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शाह आयज गांधीनगरांत राज्य आनी केंद्रशासित प्रदेशांच्या सहकार मंत्र्यांच्या उच्च पांवड्यावेल्या विचारमंथन बसकेचे अध्यक्षपदार आसतले
- काल रातीं ऑस्ट्रेलियेचेर दणदणीत जैत मेळोवन श्रीलंकेन टी-20 विश्वचषकाच्या सुपर 8 सर्तींत सुवात मेळयली

आता पुराय खबरो

मुर्मू 70

आंतरराष्ट्रीय फ्लीट रिव्हयू (IFR) २०२६ पळोवपाक राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज सावन दोन दिसांच्या आंध्र प्रदेशाच्या भेटीर वतली.आयज सांजवेळा ती विशाखापट्टणमांत पावतली. तांका आंध्र प्रदेशाचे राज्यपाल एस.अब्दुल नझीर आनी मुख्यमंत्री एन.चंद्रबाबू नायडू येवकार दितले. सांजवेळा उसरां राष्ट्रपती खातीर मेजवानीचे आयोजन जातले. फाल्यां राष्ट्रपती सशस्त्र दळांचे सर्वोच्च कमांडर म्हूण IFR 2026 पळयतली. "युनायटेड थ्रू ओशन्स, स्ट्रेंथनिंग ब्रिजेस ऑफ फ्रेंडशिप" ह्या विशयां अंतर्गत भारतीय नौदलान आयोजीत केल्ल्या ह्या पुन/राव/लोकन कार्याव्लीत भारताची दर्या क्षमता, सहकार आनी दर्यांत सार्वभौम पळोवणी दरशयतले .

मॅक्रॉन 90

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज मुंबयंत फ्रांसाचे राष्ट्रध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांची भेट घेतले. हे बसकेंत दोनूय फुडारी भारत-फ्रांस धोरणात्मक भागीदारींतल्या प्रगतीचो नियाळ घेतले आनी प्रादेशिक आनी जागतीक म्हत्वाच्या प्रस्नांचेर विचारांची देवाण घेवाण करतले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या आमंत्रणा प्रमाण मॅक्रॉन आयज सावन तीन दिसांच्या भारत भोंवडेर आसात. राष्ट्राध्यक्ष मॅक्रॉनाची ही चवथी भारत भेट आनी एआय इम्पॅक्ट समिटांत वांटो घेवपा खातीर मुंबयची ही पयली भेट. तांची चर्चा धोरणात्मक भागीदारी घटमूट करपाचेर आनी नव्या आनी उदेत्या क्षेत्रांनी विविधताय हाडपाचेर भर दितली. सांजवेळार दोनूय फुडारी भारत-फ्रांस नवनिर्माण वर्स 2026 चें उक्तावण करतले आनी दोनूय देशांतल्या वेवसायीक फुडाऱ्यांच्या मेळाव्यात उलोवप करतले.

कॅथरीन 55

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आनी फ्रान्साची सशस्त्र दल मंत्री आणि आदली सैनिक कॅथरीन वॉट्रिन आज बेंगळुरूत सव्या भारत-फ्रान्स वार्षिक संरक्षण संवादाचे संयुक्तपनान अध्यक्षस्थानार आसतली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत संरक्षण मंत्रालयान सांगलां की, हे बसकेंत संरक्षण सहकार कब्लातीचें आनीक 10 वर्सां खातीर नुतनीकरण करपाचेर आनी हॅमर क्षेपणास्त्रां तयार करपा खातीर संयुक्त उपक्रम करपा खातीर समजीकायेच्या कबलातीचेर सय करपाचेर भर दितले.

सेवा तीर्थ' 70

नव्यान उक्तावण केल्ल्या प्रधानमंत्री कार्यालय 'सेवा तीर्थ' हांगा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी काल आदले राष्ट्रपती रामनाथ कोविंद यांची भेट घेतली. आदले राष्ट्रपती रामनाथ कोविंद हांची भेट आनी वेगवेगळ्या विशयांचेर तांची अंतर्दृष्टी सदांच विचारशील आनी समृध्द करपी आसता अशें प्रधानमंत्र्यानी सोशल मिडिया पोस्टांत म्हणलां. ही इमारत खऱ्या अर्थान 'नागरीक देवो भव' - सेवा, करुणा, कर्तव्य आनी राष्ट्र पयली हाची पवित्र सुवा/तिचे प्रतिक अशे आदले राष्ट्रपती रामनाथ कोविंद हानी सोशल मिडिया पोस्टांत म्हणलां

शाह 100

केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शाह आयज गांधीनगरांत राज्य आनी केंद्रशासित प्रदेशांच्या सहकार मंत्र्यांच्या, उच्च पांवड्यावेल्या विचारमंथन बसकेचे अध्यक्षपदार आसतले. ह्या मंचाक लागून मंत्रालयाच्या मुखेल उपक्रमांचो व्यापक नियाळ, प्रगतीचें मुल्यांकन, राज्यांतल्यो सर्वोत्तम पद्धती आनी अणभवांची देवाणघेवाण आनी फुडारा खातीर समन्वयीत आराखडो तयार करप शक्य जातलें अशें सहकार मंत्रालयान सांगलें. ग्रामीण अर्थवेवस्थेक नवी गती दिवपाच्या हेतान 2 लाख नव्या बहुउद्देशीय प्राथमीक शेतकी पतसंस्था, दुग्ध आनी नुस्तेमारी सहकारी संस्था स्थापन करपाचे प्रगतीचेर चर्चा जातली. निर्यात, सेंद्रीय शेती आनी दर्जेदार बिया/णांची पुरवण ह्या मळार सहकारी संस्था घटमूट करपा खातीर नव्यान स्थापन जाल्ल्या राष्ट्रीय पांवड्यावेल्या सहकारी संस्थांनी राज्यांची भुमिका, सहभाग आनी अपेक्षा हांचेरय हे बसकेंत भर दितले.

राजनाथ 90

राष्ट्रीय सुरक्षा आणि धोरणात्मक स्वायत्तता सुनिश्चित करपाक महत्वाच्या तंत्रज्ञानाचो स्वदेशी विकास गरजेचो आसा हाचेर संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह यांनी भर दिला. बदलत्या

भू-राजकीय परि/दृश्याच्या फाट भुयेर, विमान इंजिन तंत्रज्ञानात स्वयंपूर्णता मेळोवपाचे महत्त्व सिंह यांनी अधोरेखित केले.बेंगळुरूत संरक्षण संशोधन आणि विकास संघटना (drdo)च्या गॅस turbine संशोधन आस्थापनेत **शास्त्रज्ञ** आणि अधिकाऱ्या कडे संवाद साधताना मंत्र्यांनी हे सांगले. ऑपरेशन सिंदूर चो संदर्भ दित, संरक्षण मंत्र्यांनी नमूद केले की सशस्त्र दलांनी स्वदेशी संप्रेषण प्रणाली, देखरेख उपकरणां आणि शस्त्रा वापरून संरक्षण क्षमतांमदी वाढती स्वावलंबन दर्शयला. त्यांच्या भेटी वेळार सिंह यांनी स्वदेशी लष्करी गॅस turbine इंजिन विकासाकडे संबंधित चालू प्रकल्पांच्या प्रगतीचो नियाळ घेतलो.

**हयो खबरो तुमी आकाशवाणीच्या पणजी केंद्रवेल्यान आयकतात**

**आता मुखवेलयो खबरो**

एआय इम्पॅक्ट 150

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी नवी दिल्लीत भारत मंडपम हांगा इंडिया एआय इम्पॅक्ट एक्स्पोचे उक्तावण केले. त्यांनी एक्स्पो तल्या वेगवेगळ्या स्टॉल्साक भेट दिली. या वेळार इलेक्ट्रॉनिक्स आणि आयटी मंत्री अश्विनी वैष्णव आणि इलेक्ट्रॉनिक्स आणि आयटी राज्यमंत्री जितिन प्रसाद उपस्थित

आशिल्ले. इंडिया एआय इम्पॅक्ट एक्स्पो २०२६ हे २० फेब्रुवारी मेरेन भारत मंडपमात इंडिया एआय इम्पॅक्ट समिट वांगडा आयोजित केला .

आयज नवी दिल्लींत जावपी इंडिया एआय इम्पॅक्ट समिटांत कैंद्रीय शिक्षण मंत्रालयान Ministry of Education - Pushing the Frontier of AI in India ह्या विशयाचेर खाशेलें अधिवेशन जातलें. शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान आनी शिक्षण राज्यमंत्री जयंत चौधरी ह्या अधिवेशनांत हाजीर आसतले आनी शिक्षणांत कृत्रिम बुध्दीची परिवर्तनकारी क्षमता वापरपा-खातीर मंत्रालयान चालू आशिल्ल्या यत्नांचेर भर दितले.ते भायर भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जगत प्रकाश नड्डा आयज नवी दिल्लींत जावपी भारत एआय शिखर सभेंत दोन राष्ट्रीय उपक्रमांची सुरवात करतले. ह्या उपक्रमांत Strategy for Artificial Intelligence in Healthcare for India (SAHI) आनी the Benchmarking Open Data Platform for Health AI (BODH) आस्पावता.

अश्विनी 100

भारताची वेगान विस्तारपी क्रिएटर अर्थव्यवस्था देशाच्या मजबूत डिजिटल मुळाव्या सुविधा आणि कुशल लोकसंख्येक लागुन बळकट जातात आशे नवी दिल्लीत जाल्या एआय इम्पॅक्ट समिट २०२६ च्या अधिकृत उपग्रह कार्यक्रमाच्या सत्रा वेळार जाल्या संभाषणात,कैंद्रीय इलेक्ट्रॉनिक्स आणि माहिती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी सांगले. मंत्र्यांनी वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी कृत्रिम बुद्धिमत्तेच्या परिवर्तनकारी परिणामार उजवाड घालो. वैष्णव यांनी अशे प्रतिपादन केले की भारताची क्रिएटर अर्थव्यवस्था वेगान वाढता आणि नवीन तंत्रज्ञान आणि काम करपाच्या नवीन पद्धतींकडे जुळोवन घेता. त्यांनी नमूद केले की देशाचो जवळजवळ ९० टक्के भाग 5G न व्यापला जाका लागुन नागरिक डिजिटली मूळाकडे जोडतात. सरकार उदेत्या तंत्रज्ञाना खातीर कार्यबळ तयार करपाक पुनर/कुशळता, कुशळता वाडोवप आणि नवीन प्रतिभा तयार करपाचेर लक्ष केंद्रित करता

Shah 140

कलम ३७० रद्द केल्या उपरांत काश्मीर, ईशान्य आणि माओवादग्रस्त भागातलो हिंसाचार अयशी टक्क्यांनी कमी जाला अशे केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हांणी म्हणला. तो दिस पयस ना जेन्ना हयो सुवाती हिंसाचारापासून पुरायपणान मुक्त जातल्यो अशे ताणी म्हळे.**Byte 370**

दिल्ली पोलिसांच्या एकोण अयशाव्या स्थापना दिसानिमित्त उलयताना ताणी मुखार सांगले की ११ राज्यांत पसरलेलो माओवादी दहशतवाद देशाच्या अंतर्गत सुरक्षेखातीर सदाच एक व्हड आव्हान थारला. राष्ट्रीय राजधानीत पोलिसिंग अधिक घटमुट करपाक **दिल्ली पोलिस** स्पेशल cell integrated मुख्यालयाची बुन्याद घाली. इंटिग्रेटेड मुख्यालय तीनशे पंचेचाळीस कोटी रुपयांच्या अंदाजे खर्चान बांधतले आणि ते घुंवळी वखदांची तस्करी आणि दहशतवादाचो फुडो करपाक देशातले सगळ्यात प्रगत कैंद्रांपैकी एक जावपाक सज्ज आसा अशे सांगुन, अत्याधुनिक कॉम्प्लेक्सात आधुनिक इनडोअर फायरिंग रेंज, वॉर रूम, सायबर लॅब, प्रशिक्षण हॉल आणि ऑपरेशनल कार्यक्षमता वाडोवपाक वेगवेगळ्या प्रगत उपकरणांचो आसपाव आसतलो अशे ताणी सांगले. देशभरात पोलिस विभागां खातीर हे एक आदर्श खासा कक्षाचे मुख्यालय म्हणून उदेतले अशे ताणी म्हणले.BYTE SEAF

क्रिकेट 60

काल रातीं कँडीच्या पल्लेकेले आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर ऑस्ट्रेलियेचेर दणदणीत जैत मेळोवन श्रीलंकेन टी-20 विश्वचषकाच्या सुपर 8 सर्तींत सुवात मेळयली. पथुम निसांकाच्या रोमांचक नाबाद शतकाच्या आदारान श्रीलंकेन फक्त 18 षटकांत २ बाद एकशे chavryayshi  धांवड्यो केल्यो.

वेदर 50

दिल्ली, अंदमान आनी निकोबार जुंवे, हरियाणा, चंडीगढ आनी पंजाब हांचेर आयज काय सुवातिनी गडगड आनी वीज पडपाचो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला. राजस्थानातय  अशीच हवामानाची परिस्थिती उरपाची शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फाववत काय मुखेल खबरो

- आंतरराष्ट्रीय फ्लीट रिव्ह्यू (IFR) २०२६ पळोवपाक राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू आयज सावन दोन दिसांच्या आंध्र प्रदेशाच्या  भेटीर वतली.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज मुंबयंत फ्रांसाचे राष्ट्रध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांची भेट घेतले
- केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शाह आयज गांधीनगरांत राज्य आनी केंद्रशासित  प्रदेशांच्या सहकार मंत्र्यांच्या उच्च पांवड्यावेल्या विचारमंथन बसकेचे अध्यक्षपदार आसतले
- काल रातीं  ऑस्ट्रेलियेचेर दणदणीत जैत मेळोवन श्रीलंकेन टी-20 विश्वचषकाच्या सुपर 8 सर्तींत सुवात मेळयली